# <u>मुख्यमंत्र्या हस्तुकीं कारापूर-सर्वण पंचायत इमारतीचें उक्तावण</u>

ता. 1 एप्रिल 2025

मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी आयज कारापूर-सर्वण पंचायतीच्या नवीन इमारतीचें उक्तावण केले.

मयें मतदारसंघाचें आमदार श्री. प्रेमेंद्र शेट, जिल्हा पंचायत वांगडी श्री. महेश सावंत, कारापूर-सर्वण पंचायतीच्यो सरपंच तन्वी सावंत, गट विकास अधिकारी ओंकार मांद्रेकर, श्रीमती अपर्णा राणे सरदेसाय, श्रीमती दिव्या डी. नाईक आनी हेर पंच वांगडी उक्तावण कार्यक्रमाक उपस्थित आशिल्लें.

ह्या वेळार उलयतना मुख्यमंत्र्यान गावांतल्या शेतकारांक सामुदायिक शेती करपाचो उलो मारलो. सामुदायिक शेती करपा खातीर शेतकी खात्याच्या अनेक येवजण्यांचो लाव मेळटा. शेतकारांनी अशां येवजण्यांचो लाव घेवन पडीक जमीन लागवडी खाला हाडची, अशें मुख्यमंत्र्यान सांगलें.

राज्यांतलो प्रत्येक गाव आनी शार आत्मनिर्भर करपा खातीर सरकारान स्वयंपूर्ण उपक्रम चालीक लायला आनी हो उपक्रम यशस्वी जावप हे थळाव्या पंचायतींच्या प्रयत्नांचेर निंबून आसा, अशें मुख्यमंत्र्यान सांगलें.

आमदार श्री. प्रेमेंद्र शेट हांणी दीन दयाळ उपाध्याय ग्रामीण कौशल्य सारख्या येवजणेक लागून पंचायत इमारतीचे सपन पुर्ण जावपाक शकले अशें सांगून मये मतदारसंघात आता मेरेन 27 कोटी रूपया खर्चाची विकास कामां पुर्ण जाल्ल्याचें सांगलें.

सुरवातीक सरपंच तन्वी सावंत हांणी मानेस्तांक येवकार दिलो.

म्हा /सप/ / विगां/ 2025/304

--
---

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,
Government of Goa,
Udyog Bhavan, Third Floor,
Near Azad Maidan,
Panaji – Goa.